# मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं

ता. 30 ऑक्टोबर 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक परबीं भेटयल्या आनी दिवाळीचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय आनी समृध्दी घेवन येव, अशी प्रार्थना केल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा "दिवाळी हो दिव्यांचो उत्सव. दिवाळीचो सण सद्गुणांनी वायटाचेर आनी उजवाडान काळखाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. रावणाचो वध करून अयोध्येत परत आयिल्ल्या श्रीरामाक येवकार दिवपाक आनी उत्साह मनोवपाक अयोध्येतल्या जनतेन दिव्यांची रोशणाय केल्ली.

दिवाळीचो उत्सव समाजात शांतीकाय, भावपण आनी सलोखो वाडोवपाक लोकांक उर्बा दिता. हो सण सगळ्यांक काळखातल्यान उजवाडाकडेन वचपाची वाट दाखयता.

गोंय राज्य प्रगतीच्या मळार नेटान पावलां मारता. राज्यांन आत्मनिर्भरतेचेर भर दिल्लो आसा. आमी सगळ्यांनी आमच्या मदले भेदभाव पयस करून आनी सामाजीक सलोखो कायम राखून राज्याच्या उदरगतीक हातभार लावया.

ह्या दिवाळीच्या सणानिमतान लोकांच्या जीणेतलो काळोख पयस जाव आनी प्रत्येकाच्या कुटुंबात उत्साह आनी भरभराटीचो उजवाड पातळू, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/595

--

---------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.